पणजी प्रादेशिक  २५.08.२०२६  राजश्री कामत

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी ओणमच्या निमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून गोंयांत आनी संवसारभर रावपी केरळ लोकांक उरबे भरीत परबीं दिल्यां.

प्रधानमंत्री ग्राम सडक येवजणे खाला 102 कोटी मोलाच्या प्रकल्पांक केंद्रान परतून मंजुरी दिल्या अशी माहिती भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिल्या

पोलीस महासंचालकांक  कोलवाळ कादयेक भेट दिवन पळोवणी करपाचे आणि थंयच्या वेगवेगळया समस्यांबाबत अहवाल सादर करपाचे निर्देश दिल्यात अशे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांनी सांगला

मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठान आयज सुधारीत गोंय नगरपालिका  अध्यादेश २०२६ पुरायपणान कायदेशीर आसा असो  निवाडो दीला

Dip 75

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी ओणमच्या निमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून गोंयांत आनी संवसारभर रावपी केरळ लोकांक उरबे भरीत परबीं दिल्यां. हो समृध्दी, समरसता, एकचार आनी आमच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाचो उत्सव. हो उत्सव राजा महाबली हाच्या आख्यायिक राजवटीचो उगडास करतात, जाची राजवट समता, न्याय, करुणा आनी विपुलतेन भरिल्लो भांगराळे युग म्हणून वळखतात.ताच्या राजवटीक संबंदीत आशिल्ले कालातीत आदर्श आमकां आदर, स्वाभिमान आनी समावेशकता आनी  सर्वसमावेशक समाज निर्माण करपाक  सतत प्रेरणा दित रावतात अशे राज्यपालानी आपल्या संदेशात म्हणला.

Rashmi 60

प्रधानमंत्री ग्राम सडक येवजणे खाला 102 कोटी मोलाच्या प्रकल्पांक केंद्रान परतून मंजुरी दिल्या. ह्या पयली ह्या कामांखातीर कीतलो खर्च येतलो ताच्या अदमासाचो अहवाल  केंद्र सरकाराक दीवपाखातीर गोंय भौशिक बांधकाम खात्याक कळाव जाल्लो, ताका लागुन प्रस्तावीत रस्त्याची

कामा अडकुन उरील्ली अशी म्हायती भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली. गोंयांतल्या वेगवेगळया वाठारात रस्ते बांधपाचे काम ह्या येवजणेवरवी जातले अशें तांणी सांगलें.

गणेश 90

कोलवाळ बंदखणीत घुंवळी वखदांच्या तस्करी सयत म्हारग दरान जेवाण मेळप तशेच हेर गैरप्रकारांची पोलीस म्हासंचालकांमार्फत चवकशी जातली. पोलीस म्हासंचालकांक बंदखणीची पळोवणी करून चवकशी अहवाल सादर करपाचे निर्देश दिल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.मंत्रिमंडळ बसके उपरान पत्रकारांकडेन उलयताना तांणी ही म्हायती दिली. कोलवाळ बंदखणीन घुंवळे वखदांच्या तस्करीचे प्रकार उक्ताडार आयल्या. येत्या अधिवेशनात गोंय वकील संरक्षण विधेयक सरकारामार्फत सादर जातलें. ह्या विधेयकाक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिली. माझा फ्लॅट येवजणे खातीर सरकारान सहकार कायद्यात दुरूस्ती करपी अध्यादेश जारी केल्या. ह्या अध्यादेशांक अनुसरून कायद्यात दुरूस्ती करपा खातीरच्या विधेयकांक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिल्या. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली.

युपिआय 100

युनिफाइड पेमेंट्स इंटरफेस (UPI) वरवी जावपी डिजिटल पेमेंटाक लागुन मडगाव न्यू मार्केटातल्या ल्हन व्यापारी आणि ग्राहकांक सदच्या मोडीचो उणाव पयस जाल्यान प्रचंड सोय जाल्या.या डिजिटल बदलाचेर उलयताना, मडगाव न्यू मार्केट मर्चंट्स असोसिएशनचे अध्यक्ष गोपाल नाईक यांनी सांगले की, रस्त्यावेले आणि फळ विक्रेत्यांसयत जवळपास ९० टक्के खरेदीदार आणि विक्रेते आता दिसपट्या व्यवहारां खातीर UPI क प्राधान्य दितात. नाईक यांनी अधोरेखित केले की, ही प्रणाली दोन ते धा रुपयां मेरेनच्या ल्हान रकमे खातीरय अखंडितपणान बेगोबेग पेमेंट कर पाची सुविधा दिता जाका लागुन व्यापाऱ्यांक बँकेत परत परत वचपाचो त्रास वाचता आणि विक्रीचे नुकसान टळता. एकूणच, UPI थळाव्या व्यापारा खातीर एक महत्त्वपूर्ण चालना थारल्या

MAHESH 130

देशाच्या शीमेर कर्तव्य निभावपी जवानांप्रती कृतज्ञता आणि आपुलकी व्यक्त करपाक चैतन्य प्रतिष्ठान, गोवा वतीन अंदुय 'एक राखी सैनिकां खातीर हो खासा' उपक्रम आयोजित केला. या उपक्रमाचो मुख्य कार्यक्रम ब्रेस्तार, 27 ऑगस्टाक सकाळी 10 क दोना पावला लोकभवनाच्या दरबार हॉलात जातलो.या कार्यक्रमाक गोयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू मुखेल सोयरे म्हण उपस्थित रावतले फामाद अभिनेता योगेश सोमण हे कार्यक्रमाचे मुखेल वक्ते आसतले. तसेच केरळम आणि तामिळनाडूचे राज्यपाल राजेंद्र व्ही. आर्लेकरय कार्यक्रमाक खासा उपस्थिती आसतली. चैतन्य प्रतिष्ठानावतीन दरवरसा रक्षाबंधनाच्या निमित्तान सीमेवेल्या जवानां खातीर राख्या धाडपाचो उपक्रम राबयता. 'एक राखी सैनिकां खातीर' या उपक्रमाच्या माध्यमातल्यान सर्वसामान्य नागरिक, विद्यार्थी आणि देशाच्या सीमेर सेवा दिवपी जवाणा मदी भावनिक नाते निर्माण करपाचो प्रयत्न म्क्रतात.गोयात्ल्यो शाळा, उच्च माध्यमिक विद्यालया आणि महाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांकडच्यान ही जवानांखातीर राख्यो संकलित करतात. अंदु सर्वसामान्य नागरिकांकुय जवानां खातीर राख्यो दिवपाचे आवाहन प्रतिष्ठानान केला. या उपक्रमातल्यान नागरिकांमदि देशभक्तीची भावना जागृत करपाचो उद्देश असल्याचे प्रतिष्ठानान म्हणला.

रश्मी 80

मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठान आयज सुधारीत गोंय नगरपालिका अध्यादेश २०२६ पुरायपणान कायदेशीर आसा असो निवाडो दीला ह्या अध्यादेशांत ११ नगरपालिकांतील प्रभागांचें सीमांकन आनी आरक्षण हांचो समावेश आसा.उच्च न्यायालयान गोंय राज्य वेंचणुक आयोगाक नगरपालिका निवडणुकीची प्रक्रिया २ जानेवारी २०२७ मेरेन पूर्ण करपाचो आदेश दिला अशी म्हायती राज्य वेंचणुक आयोगाची बाजु मांडपी वकील सोमनाथ कर्पे हांणी आयज सुनावणे उपरांत दीला.ह्या निर्णयाखातीर गोंयातल्या ११ नगरपालिकांच्या निवडणुकीचो मार्ग मेकळो जाला.ह्या अध्यादेशात कायदेशीर बाबतीन त्रुटी आसा असो दावो करीत 3 याचीकादारांनी न्यायालयात याचीका दाखल केल्ल्यो.

DD 80

दिवचले हांगाच्या सरकारी आयटीआय हांगा आयज 'प्लेसमेंट फेअर 2026' आयोजीत केलो. 'कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता संचालक' वतीन हो मेळावो घडोवन हाडलो.मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, डी एस डी ई चे संचालक विनायक कांबली आनी प्राचार्य कपिल आयगल हांच्या हाजिरेंत ही कार्यावळ जाली. ह्या कार्यावळी वेळार उलयतना मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी सांगलें कि पास जाल्ले विद्यार्थी आतां जिणेच्या नव्या टप्प्यांत पावल घालतात. नियोक्त्या कडेन बरी वागणूक आनी निश्ठा दरेकल्याची एकंदर उदरगत आनी करिअर उदरगती खातीर उपेगी पडूं येता अशें तांणी म्हणले .

राजेश 20

दिवचल म्हालातल्या चोडण माडेल ग्रामपंचायतचे नवे सरपंच म्हणून संजय कृष्णनाथ कळंगुटकर हांची आयज बिनविरोध निवड जाली .सरपंच पदाखातीर एकमेव अर्ज आयिल्यान तांची सरपंच म्हणून निवड करपांत आयली

राजेश 50

गोंय फलोत्पादन महामंडळाच्या वतीन दिवचलच्या पैरा हांगा हॉर्टीकल्चर आउटलेटचे उक्तावण आमदार प्रेमेंद शेट हांचे हस्तुकीं आयज जालें. यावेळार भाजपचे उत्तर गोंय अध्यक्ष दयानंद कार्बोटकर, महामंडळाचे संचालक मंडळ वांगडी विश्वास चोडणकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

Dip 180

फाटल्या सप्तकांत राज्यांत इन्फ्लूएंझाचें प्रमाण वाडिल्ल्याची म्हायती भलायकी सेवा संचालनालयान दिल्या. ही वाड पावसाच्या दिसांनी स्वास घेवपाच्या दुयेंसांच्या हंगामी स्वरुपा

प्रमाण आसा. देखरेखीच्या आंकड्यां प्रमाण जुलय आनी ऑगस्ट इन्फ्लूएंझा पॉझिटिव्ह दुयेंतींची संख्या मात्शी वाडल्या. देखरेखीच्या आंकडेवारी प्रमाण  जूनांत इन्फ्लूएंझा पॉझिटिव्ह दुयेंतींची संख्या 6 आशिल्ली ती , जुलयांत वाडून 44 जाली आनी 20 ऑगस्ट  मेरेन 73 मेरेन पावली. भलायकी सेवा संचालनालयान नागरिकांक कांय गरजेची जतनाय घेवपाचो सल्लो दिला: खोंकली वा शिंकतना नाक आनी तोंड लेस  वा टिश्यून धापप ; श्वसनविकाराची लक्षणां दिसल्यार मास्क घालचें आनी हेरां कडेन लागींचो संपर्क टाळचो;

स्पोर्ट्स 20

डो. बी सी रोय करंडक राष्ट्रीय जुनियर चल्यानच्या फुटबॉल सरती खातीर गोवा फुटबॉल असोसियेश्नान पगड जाहीर केला.

वेदर 30

पणजीच्या वेधशाळेन दिल्या माहिती प्रमान फाटल्या २४ वराक पाव्साचो नेट मात्सो उणो जाला आणि ह्ल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडला.